08/01/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो :-

- राज्यात तिसरो जिल्हो स्थापन करपाची प्रक्रीया सुरू आसा. तिसरो जिल्हो बेगीनूच स्थापन जातलो, मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्या म्हाईती .
- केंद्र सरकाराचे प्रकल्प हें जनतेच्या बऱ्याक आशिल्ल्यान ताका विरोध करप योग्य न्हय पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हांचे मत
- वाहन चालक परवान्याचो नूतनीकरण काळ वाडोवपाची येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांची मागणी केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी केल्या मान्य .
- तियात्र ह्या कला प्रकाराक युनेस्कोची मान्यताय मेळोवपा खातीर राज्य सरकार खासा यत्न करतलें अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी तियात्र अकादमीच्या शिश्टमंडळाक उतर दिलां.

<u>Ganesh 100</u>

राज्यात तिसरो जिल्हो स्थापन करपाची प्रक्रीया सुरू आसा. तिसरो जिल्हो बेगीनूच स्थापन जातलो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. पर्वरी मंत्रालयात मंत्रिमंडळ बसके उपरांत उलयताना तांणी ही म्हायती दिली. नोकरभरतीची प्रक्रीया सुरूच आसा. ह्या दोन म्हयन्यात नेमणुकेची पत्रां दिवचे ना. एप्रिलसावन नोकरीची नेमणूक पत्रां दिवपाक सुरवात जातली. गोंय पुलिशीत वरिश्ट श्रेणी अधिकाऱ्यांची 6 पदां तयार करपाक मंत्रिमंडळान मान्यताय दिल्या. तशेच खण खात्यान कंत्राटी पद्दतीचेर 15 पदां भरपाकूय मान्यताय दिल्या. खण म्हालाच्या ई पावणेची प्रक्रीया सुटसुटीत करपा खातीर खण धोरणात दुरूस्ती जातली. गोरवा चिकित्सा म्हाविद्यालयाच्या प्राचार्य पदाचेर डी. आंतोनियो हांची कंत्राटी पद्दतीचेर नेमणूक केल्या, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंत्रिमंडळ बसके उपरांत सांगलें.

<u>DIP 85</u>

गोंय सरकाराच्या वस्तुसंग्रहालय संचालनालयान बिहार वस्तुसंग्रहालय, पाटणा हांच्या जोड पालवान 10 ते 31 जानेवारी 2025 मेरेन आर्ट गॅलरी, संस्कृती भवन, कला आनी संस्कृती

संचालनालय, पाटो पणजी हांगा "सीता: बिहाराची कन्या" – "Sita: The Daughter of Bihar" ह्या विशयाचेर लोक कला प्रदर्शनाचे आयोजन केला. लोक कला प्रदर्शनाचे उक्तावण 10 जानेवारीक सांजेच्या 4.30 वरांचेर पद्मश्री विनायक खेडेकर हांचे हस्तुकीं जातले. बिहार वस्तुसंग्रहालयाच्यो महानिर्देशक अंजनी कुमार सिंग, गोंय सरकाराच्या वस्तुसंग्रहालय संचालनालयाचे संचालक डॉ. वासू एम. उसपकर उक्तावण कार्यक्रमाक उपस्थित आसतले. प्रदर्शन लोकांखातीर सकाळी 10.00 ते सांजेची 6.00 वरां मेरेन उकते आसतले.

Sushant 130

मडगावच्या गोमंत विद्या निकेतन या संस्थेन घडोवन हाडिल्ली विचारवेध ही व्याख्यानमाळ आयजसावन गोमंत विद्या निकेतन सभागृहात सुरु जाल्या. आयज ह्या व्याख्यानमाळेत सेव्ह लायफ फाऊंडेशनाचे संस्थापक पियुश तिवारी हांचे रस्त्यावयले अपघात आनी युवक ह्या विशयावयले व्याख्यान सध्या चालू आसा. अंदू वर्सा ह्या व्याख्यानमाळेचे हे २५ वे वर्स जावन आसा.
१२ जानेवारीमेरेन ही व्याख्यानमाळ चालू आसतली अशी म्हायती विद्या निकेतन संस्थेचे सचिव आनंद मासूर हांणी दिली. फाल्या ९ तारखेर ह्या व्याख्यानमाळेत नामनेच्यो अभिनेत्री चिन्मयी सुमित हांचे मातृभाशा आनी शिक्षक ह्या विशयाचेर, १० जानेवारीक कोंकणातले पर्यावरण रक्षक प्रसाद गावडे हांचे 'रानमाणूस' ह्या विशयाचेर, ११ जानेवारीक शास्त्रीय गायिका मानसी प्रसाद हांचे शास्त्रीय संगीताची प्रासंगिकता जाल्यार १२ जानेवारीक वेचणूक आयोगाच्या सदिच्छा दूत म्हणून काम केल्ल्या गौरी सावंत हांचे 'मी आनी माझा प्रवास' ह्या विशयाचेर व्याख्यान जातले. दर दिसा सांजवेळा ६ वरांचेर ही व्याख्यानां सुरु जातली.

Santosh 130

केंद्र सरकाराचे प्रकल्प हें जनतेच्या बऱ्याक आशिल्ल्यान ताका विरोध करप योग्य न्हय अशें मत पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणी उक्तायला. शांतिनगर दाबोळे हांगा रेल्वे ओवर ब्रीज नव्या पुला खातीर पायपलायन घालपाच्या कामाची सुरवात केल्या उपरान्त उलयताना मंत्री गुदिनो हाणी म्हळा, की केंद्र सरकाराच्या चडशा प्रकल्पांक गोयांत सुरवेक विरोध जाला. पुण प्रकल्प पुराय

जातकच विरोध करपीच ताचो फायदो करून घेतात. कोंकण रेल्वेक सुद्धा सुरवेक असोच गोयांत विरोध जाल्ली म्हणपाची याद पंचायत मंत्री माविन गुदिनो हाणी ह्यावेळार करून दिली.
आमदार दाजी साळकार हाणी ह्यावेळार उलयताना वाडटी लोकसंख्या आनी येरादारीचो विचार करीत जाल्यार नव्या पुलाची खऱ्यानीच गरज आशिल्ली अशें सांगताना फुडल्या एक वर्सा भितर हो पूल बांदून तयार जातलो अशी म्हायती आमदार दाजी साळकार हाणी  दिली.

DESK 35

प्रोटोकॉल मंत्री माविन गुदिन्हो हाणी सोळाव्या वित्त आयोगाचे अध्यक्ष अरविंद पनागरिया, सोळाव्या अर्थ आयोगाचे वांगडी अजय नारायण झा आनी सोळाव्या अर्थ आयोगाचे वांगडी मनोज पांडा हांकां गोंयांत पावतकच दाबोळे विमानतळार माविन गुदिन्हो हाणी येवकार दिलो.

---

Desk Rajashri 190

येरादारी मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांची वाहन चालक परवान्याचो नूतनीकरण काळ वाडोवपाची मागणी केंद्रीय रस्तो  येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी मान्य केल्या. आतां हो काळ एक वर्सा बदला दोन वर्सा केला. ह्या निर्णयाक लागून गोंयच्या आनी देशभरांतल्या वाहन चालकांक थाकाय  मेळटली.केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी हांणी मंगळारा दिल्लीत सगल्या राज्यांच्या येरादारी मंत्र्यांची बसका घेतली.आनी गोया सयत सगळया राज्यांच्या येरादारी वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी 21 जानेवारीक गोंयांत येतले. मुरगांव बंदराक म्हामार्गाक जोडपी रस्तो आनी दाबोळी बोगमाळो जंक्शन ते केणी नगर मेरेन बांदिल्ल्या फ्लायओव्हराचे उक्तावण मंत्री गडकरी हांचे हस्तुकी जातलें.  हे बसकेंत उलयतना मंत्री मॉवीन गुदिन्हो हांणी गोंया खातीर म्हत्वाच्यो मागणी केल्यात. 20 लाख वा ताचे परस चड लोकसंख्या आशिल्ल्या राज्यांक केंद्रा कडल्यान वाहन चालक चांचणी केंद्रां दितात. गोंयची लोकसंख्या 20 लाखां परस उणी आशिल्ल्यान गोंया खातीर ह्या केंद्राक मान्यताय मेळूक ना. हाची पळोवणी करून मंत्री गडकारी हांणी गोंयांत वाहन चालक चांचणी केंद्राक मान्यताय दिवची अशें  ताणी सांगलें. दर वर्सा वाहन चालक परवान्याचे 2 नुतनीकरण करचें पडटा. जायते ड्रायव्हर परवानो नुतनीकरण करपाक विसरतात. ताचो तांकां फटको बसता. देखून वाहन चालकांक एक वर्सा बदला तीन वर्षां

उपरांत परवानो नूतनीकरण करपाची संद दिवची अशी मागणी गुदिन्हो हांणी केल्या. तांची मागणी मान्य करून परवानो नूतनीकरणा खातीर दोन वर्षांची मुजत दिल्या.

Desk Rajashri 100

अर्थीक वर्साच्या निमाण्या तीन म्हयन्यांत अर्थसंकल्पीय तरतुदींतल्यान 20 टक्क्यां परस चड खर्च करपाक आनी तशेंच नवीं पदां तयार करपाक, फर्निचर, संगणक, झेरॉक्स मशीन, एसी, गाडयो विकत्यो घेवपाक सरकारी खात्यांक 31 मार्च मेरेन बंदी घाल्या. अर्थ खात्याचे अवर सचीव प्रणब भट हांणी हे विशींचें परिपत्रक जारी केला.
विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 6 आनी 7 फेब्रुवारीक जातलें. पूण मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत 2025-26 वित्तीय वर्साचें अर्थसंकल्प मार्चात सादर करतले. देखून दर वर्सा प्रमाण अर्थ खात्यान एक परिपत्रक जारी करून चालू अर्थीक वर्साच्या निमाण्या तीन म्हयन्यांत सरकारी येवजण्यो वगळून अर्थसंकल्पीय तरतुदींतल्या 20 टक्क्यां परस चड खर्च करचो न्हय, तशेच 31 मार्च मेरेन सरकारी नोकऱ्यांचीं नवीं पदां भरचीं न्हय अशें निर्देश दिल्यात.

Ganesh 200

तियात्र ह्या कला प्रकाराक युनेस्कोची मान्यताय मेळोवपा खातीर राज्य सरकार खासा यत्न करतलें आनी हे संबंदी विधानसभेंत थाराव मांडटलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी तियात्र अकादमीच्या शिश्टमंडळाक हें आश्वासन दिलां. तशेंच तियात्र अकादेमी जाय मेरेन सांकवाळ कला भवनांत तियात्र अकादेमीक जागो दितले अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी दिलें.तियात्र अकादेमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोझा हांच्या अध्यक्षते खाला शिश्टनंडळान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांची भेट घेवन वेगवेगळया मागण्यांचे निवेदन सादर केलें. मागण्यांचो विचार करून त्यो सोडोवपाचें उतर मुखेलमंत्र्यांनी दिलें अशी म्हायती अध्यक्ष बार्बोझा हांणी दिली.
तियात्र कला गोंयची खाशेलपण. ही कला राष्ट्रीय तशेंच आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार पावोवपाचे यत्न सरकार करतले. अकादेमी वतीन तियात्र महोत्सव आयोजीत करतले. ह्या महोत्सवाक सरकार अर्थीक मजत करतले. तियात्र भवना खातीर जमीन संपादनाची प्रक्रिया चालू आसा. जो मेरेन तियात्र भवन जायना तो मेरेन सांकवाळच्या कला भवनांचे सभाघर तियात्र अकादेमीक दितले अशें

आश्वाशन मुखेलमंत्र्यांनी दिलें. अर्थसंकल्पांत तियात्र अकादेमी खातीर चड निधी खातीर तरतूद करतले. राजस्थान, गुजरात, नागपूर आनी मुंबय हांगा तियात्राचे प्रयोग आयज सुरू जाल्यात. हाचे वयल्यान तियात्राची लोकप्रियता सिद्ध जाता. तियात्र कलाकारांक पद्मश्री पुरस्कार आनी हेर राष्ट्रीय सन्मान मेळोवपाचो यत्न सरकार करतलें.

भेट घेतिल्ल्या शिश्टमंडळांत फादर डोएल डायस, अवितो पीरिस दी मिनेझिस, प्रदीप नायक, जिझस आंतांव, विलियम फर्नांडिस, आपोलिनो रिबेलो, आंतोनेत डिसोझा, पेद्रो वाझ, सायमन रिबेलो, वांगडी सचीव सुरेश दिवकार, विन्सी क्वाद्रुस हांचो आस्पाव आशिल्लो.

Desk rajashri 100

मडगांवच्या गोमन्त कला असोसिएशनान आपल्या 47 व्या वर्धापन दिसा म्हणल्यार आयतारा, 26 जानेवारीक अखील गोंय आंतर उच्च माध्यमीक आनी म्हाविद्यालयीन कोंकणी कविता सर्त आयोजीत केल्या. ही सर्त त्या दिसा दनपरां 3 वरां सावन सुरू जातली. हे सर्तींत गोंयांतल्या खंयच्याय उच्च माध्यमीक आनी म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांक वांटो घेवंक मेळटलो.सर्तकाक फकत कोंकणींत स्वता बरयिल्ली वा हे आदी खंयच वाचूंक नाशिल्ली वा उजवाडा येवंक नाशिल्ली कविता सादर करची पडटली.कवितेचें परिक्षण विशय, सादरीकरण, भाशा, आशय आनी वट्ट परिणाम ह्या निकशांचेर करतले.इत्सुकांनी आपल्यो प्रवेशिका 23 जानेवारी मेरेन मंगेश बोरकार, 32 ए, आबाद फारिया रोड, मुरमुटी, मडगांव गोय ह्या नाम्यार धाडच्यो वा gomantkalaassociation@gmail. com हे ईमेलीचेर धाडच्यो अशें असोसिएशनान कळयला

Desk 65

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक- खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो हेर म्हाईती

खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो

DESK RAJASHRI 130

पणजेच्या उगतें मळब आनी इन्स्टिट्यूट मिनेझेस ब्रागांझा संस्थेन 12 जानेवारीक पणजेच्या इन्स्टिट्यूट मिनेझेस ब्रागांझा सभाघरांत लोककवी मनोहरराय सरदेसाय हांचेर अखील गोंय 'इंटर कॉलेजीएट' प्रस्नमंजुशा सर्त आयोजीत केल्या.

दरेक म्हाविद्यालय दोन विद्यार्थ्यांचो आसपाव आशिल्ल्या आपल्या पंगडाचीं नांवां धाडूंक शकता. शिक्षक आनी आदल्या विद्यार्थ्यांक वांटो घेवंक मेळचो ना. चड नोंदी जाल्यार 11 जानेवारीक स्क्रीनिंग सत्र जातलें. सर्तीच्या वेळार वांटो घेवपी विद्याथ्यर्थ्यांक मोबायल, पेजर, फेसबुक, ईमेल आनी हेर वापरपाक मेळचे नात. ह्यो वस्तू वापरपी मेळ्ळे जाल्यार विद्यार्थ्यांक अपात्र थारायतले. निमणे फेरये खातीर फक्त चार पंगड पात्र थारतले. ही प्रस्नमंजुशा सर्त मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जिविताचेर, वावराचेर आनी साहित्यीक योगदानाचेर आदारीत आसतली.

प्रस्नमंजुशा सर्तीचे नेम आनी अटी सर्ती आदीं स्पश्ट करतले. पयलें, दुसरें आनी तिसरें अशीं तीन इनामां आसतलीं. आयोजकांचो निर्णय निमणो आनी बंधनकारक आसतलो. वांटो घेवपाक आपलीं नांवां 9 जानेवारी मेरेन whatsaap 9822159705 ह्या नंबराचेर जॉन आगियार हांका दिवची

Desk 65

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक- खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो

--------------------------------------------------